# उपजिविका विशयाचेर चर्चासत्र कार्यक्रम

ता. 30 नोव्हेंबर 2018
9 मार्गशीर्ष 1940

गोवा लायव्हलीहूड फोरमान ता.1 डिसेंबर 2018 दिसा सकाळी 10.00 ते दनपरा 1.00 मेरेन ब्लॅक बॉक्स, कला अकादमी, पणजी हांगा ''गोंय उपजिविका-आवाठ, आव्हांना आनी उपाय'' हया विशयाचेर चर्चासत्र कार्यक्रम आयोजित केला.

उपजिविकेच्या प्रस्नांचेर चर्चा करून हया समस्येचेर योग्य उपाय काडपाच्या उद्देशान चर्चासत्राचे आयोजन केला.

महसूलमंत्री श्री. रोहन खंवटे हया कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हुण हजर रावतले. तांच्या हस्तूकी ''टुवर्डस अ बॅटर टुमोरो'' हया उपजिविवयल्या म्हायतीपटाचे उक्तावण करतले. फिल्म निर्माति श्री. धर्मानंद वेर्णेकर हांणी हया म्हायती पटाची निर्मिती केल्या.

विनोदी कलाकार श्री. साईदत्त कामत हे हया वेळार गोवा ऑन एअर कार्यक्रम सादर करतले.

चर्चासत्रात गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अँण्ड इंडस्ट्रीजचे अध्यक्ष श्री. संदीप भांडारे, बाग लागवड तज्ञ श्री. मिंगेल ब्रागांझा, श्री. युगांक नायक, डॉ. जेनिफर लॅव्हीस कामत वाटो घेतले. ज्येश्ठ पत्रकार श्री. प्रकाश कामत चर्चासत्राचे संचालन करतले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1780